**राष्ट्रीय खबरो**

**Date: 01/04/2026** **6.30 PM**

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज आसामांतल्या दोन वेंचणुकेच्या प्रचार रॅलींनी उलोवप केलें, आसामांत एनडीएच्या फाटल्या धा वर्सांत राज्यांत म्हत्वाची प्रगती जाल्या आसामाक संवसारीक पांवड्यार च्या खातीर वळखतात आसाम चिपाखातीर वळखूपाक येतले अशे नरेंद्र मोदी हांणी म्हणला. गरीब आनी मध्यमवर्गीय लोकांचें कल्याण भाजपा खातीर मुखेल प्राधान्य उरलां. समावेशी उदरगत साध्य करपा खातीर पक्षान सदांच मुळावी बांदावळ, शिक्षण आनी भलायकी सेवा हांचेर लक्ष केंद्रीत केलां अशें गोगामुखांत आपले पयले रॅलीक संबोधीत करतना नरेंद्र मोदी हांणी सांगलें.

सध्या देशांत पांव सारखो कच्च्या तेलाचो सांठो आसा फुडले दोन म्हयने कच्च्या तेलाची पुरवण फावो त्या प्रमाणांत उरची हे खातीर सरकारान गरजेची वेवस्था केल्या अशे पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्रालयांची संयुक्त सचीव सुजाता शर्मा हांणी सांगलें. देशांतलीं तेल शुध्दीकरण केंद्रां सध्या पुराय क्षमतेन काम करतात आनी किरकोळ विक्री केंद्रांनी इंधन उणावाची घडणूक घडूंक ना अशी म्हायती संयुक्त सचीवान दिल्या.

अस्तंत आशिया संघर्शा मदीं देशांत सगळ्या प्रकारच्या पिकांचीं बियां फावो त्या प्रमाणांत मेळटली अशें सरकारान आयज आश्वासन दिलें. नवी दिल्लींत अस्तंत आशियांतल्या हालींच्या घडामोडी विशींच्या आंतरमंत्रालयीय बसकेंत संबोधन करतना शेतकी आनी शेतकार कल्याण खात्याचे अतिरिक्त सचीव डॉ मनिंदर कौर द्विवेदी हांणी देशभरांत 185 लाखां वयर खरीफ पिकाचीं बियां उपलब्ध आसात अशी म्हायती दिली.

DCDFC म्हणल्यार फिल्मी आशयाची उदरगत, संवाद आनी प्रसार येवजणे वरवीं सरकार फिल्म निर्मिती प्रणालीक सक्रीय आदार दिता अशें म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलां. DCDFC येवजण ही केंद्र सरकारान शंबर टक्के निधी दिल्ली केंद्रीय क्षेत्र येवजण आसा जातूंत सिनेमांची उत्कृश्टताय वाडोवपा खातीर अर्थीक आदार दिता अशे आयज लोकसभेंत बरयल्ल्या जापांत वैष्णव हांणी सांगलें.

अस्तंत आशियांतल्या संघर्शा मदीं तेल विपणन कंपनींनी महानगरांतल्या वेपारी एलपीजी गॅस सिलिंडरांचे दर 195 रुपया आनी 50 पयशांनी वाडयल्यात. इंडियन ऑयल कॉर्पोरेशन लिमिटेड संकेतथळा प्रमाण दिल्लींतल्या वेपारी एलपीजी गॅस सिलिंडरांचें किरकोळ मोल आतां दोन हजार 78 रुपया आनी 50 पयशांचें जालां. 19 किलो वेपारी एलपीजी सिलिंडराची सुदारीत किंमत आयच्यान लागू जाल्या.

भारतीय अंतरिक्ष संशोधन संघटनेन अनुसुचीत जाती समाजाच्या कल्याणा सयत समाजांतल्या सगळ्या वर्गांक फायदो जावपा खातीर अवकाशाचेर आदारिल्ले जायते उपेग विकसीत करून चालीक लायल्यात अशें सरकारान सांगलां.
विज्ञान आनी तंत्रज्ञान मंत्री डॉ जितेंद्र सिंगान आयज लोकसभेंत लेखी जाप दिवन ही म्हायती दिली.

**खेळ**

S. A. F. F. अंडर-20 सरतींत आयज रातच्या 9:00 वरांचेर मालदीवच्या माले हांगाच्या राष्ट्रीय स्टेडियमांत उपांत्य फेरयेंत भारत भूताना आड खेळटलो.

आशियाई मुष्टियुध्द सर्तींत आयज मंगोलियांतल्या उलानबातार शारांत भारतीय मुष्टियुध्दाचे खेळगडे सचिन सिवाच आनी विश्वनाथ सुरेश क्वार्टर फायनलींत पावले. लखनौच्या भारत रत्न श्री अटल बिहारी वाजपेयी एकना क्रिकेट स्टेडियमांत आयपीएल क्रिकेटाचे पांचवे मॅचींत लखनौ सुपर जायंट दिल्ली कॅपिटल्सा आड खेळटले. सांजवेळा 7:30 वरांचेर मॅच सुरू जातली.

**हवामान**

भारतिय हवामान खात्यान फाल्यां मेरेन छत्तीसगड, महाराष्ट्र आनी तेलंगणान गाराच्या वादळा वांगडा गडगड मारपाचो अदमास उक्तायला. शुक्रारा मेरेन वायव्य भारतांत चडांत चड तापमान दोन ते चार अंश सेल्सियस ल्हव ल्हव वाडटलें मजगतीं, फाल्यां मेरेन विदर्भ, छत्तीसगड, महाराष्ट्र आनी देशाच्या उदेंत वाठारांत चडांत चड तापमान दोन ते चार अंश सेल्सियस देंवतलें असो हवामान खात्यान अदमास उक्तायला.